# वरूणापूरी-सडा फ्लायव्होवर डिसेंबरमेरेन येरादारीक उकतो-मुख्यमंत्री

ता. 8 जुलय 2021

चार पदरी राष्ट्रीय म्हामार्ग-17-ब प्रकल्पाचो वरूणापूरी ते सडा जक्शन वास्को मेरेनचो 5.3 कि. मी. चो भाग 19 डिसेंबर 2021 मेरेन येरादारी खातीर उकतो करतले, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज बायणा वास्को हांगा भेट दिवन राष्ट्रीय म्हामार्गाच्या कामाची पळोवणी करून प्रगतीचो नियाळ घेतले उपरांत सांगलें.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी संबंदीत अधिकारी आनी प्रकल्पाच्या कंत्राटदारांची बसका घेवन प्रकल्पाच्या प्रगतीचो नियाळ घेतलो. मुख्यमंत्र्यान प्रकल्पाची कंत्राटदार कंपनी गॅमॉन इंडियाच्या अधिकाऱ्यांक बांदकामाक गती दिवन जाता तितले बेगीन प्रकल्प पुर्ण करपाचो आदेश दिलो. प्रकल्पाचो मुखेल भाग पुर्ण जाल्ल्यान उरिल्लो भाग प्राधान्यान पुर्ण करचो, अशें सांगून पुर्ण जाल्लो मुखेल भाग डेसेंबर मेरेन येरादारीक उकतो करपात येतलो, अशें सांगलें.

शार उदरगतमंत्री श्री. मिलिंद नाईक, मुखेल सचीव श्री. परिमल राय, भौशीक बांदकाम खात्याचे प्रधान मुख्य सचीव श्री. यु. पार्सेकर आनी हेर अधिकारी बसकेक हजर आशिल्ले.

गॅमॉन इंडिया कंपनीचे उपाध्यक्ष श्री. अनंत कडीवाल हांणी प्रकल्पाच्या पुर्ण जाल्ल्या कामाची म्हायती दिवन प्रकल्प वेळार पुर्ण करपाच्या कामांत येवपी आडखळ्यांचीय म्हायती करून दिली.

बसके उपरांत मुख्यमंत्र्यान अधिकाऱ्यांवांगडा वरूणापूरी ते सडा जक्शन वास्को मेरेनच्या राष्ट्रीय म्हामार्गाच्या कामाची पळोवणी केली. वरूणापूरी ते सडा जक्शन हो प्रकल्पाचो मुखेल भाग आसून तो उकतो जाल्या उपरांक वास्को शाराच्या सर्वांगीण विकासाक म्हत्वाचो थारतलो. तशेंच शारातली येरादारी सुरळीत जावपाक मदत जातली, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

भौशीक बांदकाम खात्यान राष्ट्रीय म्हामार्ग प्राधिकरण, मुरगांव पोर्ट ट्रस्ट हांच्या सहकार्यान ह्या प्रकल्पाचे काम हातात घेतिल्ले आसून सुमार 500 कोटी खर्चाचो हो प्रकल्प आसा.

मुख्यमंत्र्यान बायणा ते सडा आनी सडा जक्शन ते अंटार्क्टिका सेंटर मेरनच्या 8 कि. मी. रस्त्याच्या कामाचोय नियाळ घेतलो.

शार उदरगतमंत्री श्री. मिलिंद नाईक हांणी हो रस्तो लोकांखातीर म्हत्वाचो आशिल्ल्यान तो बेगीनात बेगीन पुर्ण करपाक सांगलें.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/578

--
Issued by Department of Information & Publicity